# “प्रशासनांत कोंकणीचो वापर” जागृताय कार्यावळ जाली

ता. 2 डिसेंबर 2024

युवा पणजीन गोंय सरकाराच्या राजभाशा संचालनालयाच्या जोड पालवान 29 नोव्हेंबर 2024 ह्या दिसा, एका दिसाची “प्रशासनांत कोंकणीचो वापर” ही जागृताय कार्यावळ घडोवन हाडली. कार्यावळीच्या उक्तावणाक मुखेल सोयरे म्हणून डॉ. पद्मनाभ राताबोली, राजभाशा संचालनालयाचे संचालक प्रशांत शिरोडकर, उपसंचालक अनिल सावंत, मुखेल उलोवपी प्रो. डॉ. किरण बुडकुले, युवा पणजीचे अध्यक्ष सर्वेश शेटये आनी उपाध्यक्ष-सनथ भरणे हे मानेस्त हजर आशिल्ले. दोतोर राताबोली हांणी ह्या वेळार उलयतना कोंकणी भाशेची गिरेस्तकाय आनी इतिहास सांगलो आनी अश्या कार्यावळींची गरज उक्तायली. कार्यावळीक एकूण 248 जाणांनी वांटो घेतलो. कार्यावळ एकाच वेळार दोन सभाघरांनी जाली. ही कार्यावळ सरकारी कर्मचारी, शिक्षक, विद्यार्थी आनी नागरिकां खातीर आशिल्ली.

सरकारी आनी प्रशासकी कामकाजांत आपली मायभास कोंकणी भाशेच्या वापरपाचें म्हत्व पटोवन दिवप तशेंच राजभाशा अधिनेमा विशीं माहिती आनी कोंकणी भाशेचो वापर केल्यार पत्रवेव्हार प्रभावी कसो जावं येता हाचें म्हत्व पटोवपाचेर भर दिल्लो. संवादात्मक सत्रां वरवीं कोंकणी वापरल्यार प्रशासकी प्रक्रिया कशी सोंपी आनी सुटसुटीत करूं येता, संवाद सुदारूं येता, आनी गोंयकार समाजा कडेन घट संबंद कसो वाडोवंक मेळटा हाची जाणविकाय वांटेकारांक मेळ्ळी. दामोदर घाणेकार, डॉ. पलिया पंडित अशा वेगवेगळ्या मानेस्तांनी आपले विचार मांडले. ही कार्यावळ प्रशासनांत कोंकणीची भुमिका घटमूट करपाचे दिकेन तशेंच गोंयांत सांस्कृतीक संरक्षण आनी प्रशासकीय कामकाज आनीक प्रभावी आनी परिणामकारक करपा खातीर म्हत्वाची थारली.

कार्यावळीच्या समारोप सुवाळ्याचें येवकाराचें उलोवप युवा पणजीचे संस्थापक रघुवीर महाले हांणी

केलें. ह्या वेळार प्रुडंट मिडियाचे संचालक प्रमोद आचार्य मुखेल सोयरे म्हण हजर आशिल्ले. तांणी आपल्या भाशणांत युवा पणजीची तोखणाय करतनाच, सगल्या वांटेकाऱ्यांक प्रत्येक भाशेचो सभाव कसो वेगळो आसता तें सांगलें आनी भाशा चडांत चड लोक वापरता ती आसची आनी प्रमाण वा ग्रांतीक भास वापरपाचेर मातशी सूट आसल्यारच तिचो वापर सोंपो आनी मोटे प्रमाणांत जातलो अशें सांगलें.

उपरांत वांटेकाऱ्यांक प्रमाणपत्रां भेटोवन कार्यावळीचो समारोप जालो. कार्यावळीचें सुत्रसंचालन देविता खुळे आनी मेगन डिसुजा हांणी केलें.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/654

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa, Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan, Panaji – Goa.